राजश्री कामत राष्ट्रीय खबरो १५.१२.२०२५ @ ६.३० PM

मोदी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जॉर्डन, इथिओपिया आनी ओमान अशा तीन राश्ट्रांच्या भोंवडेर अम्मान पावले. जॉर्डनचे राजा अब्दुल्ला द्वितीय बिन अल हुसेन हाच्या आमंत्रणावेल्यान प्रधानमंत्री जॉर्डनांक गेल्यात. आपल्या प्रवासाच्या पयल्या टप्प्यांत राजा अब्दुल्ला आनी जॉर्डनाचे प्रधानमंत्री जाफर हसन हांचे कडेन सविस्तर चर्चा करतले अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी आपल्या प्रस्थान निवेदनांत सांगले. भारत-जॉर्डन संबंदांत म्हत्वाचें योगदान दिवपी अम्मानांतल्या उत्साही भारतीय समुदायाकय मोदी मेळटले. मोदी हांची ही भेट दोनूय देशां मदीं राजनैतिक संबंद स्थापन जाल्ल्याच्या 75व्या वर्धापन दिसा निमतान जाता. अम्मान सावन प्रधानमंत्री फाल्यां इथिओपियाची राजधानी आदीस अबाबाक वतले. इथिओपियाचे प्रधानमंत्री डॉ.अबी अहमद अली हांचे कडेआदीस अबाबांत ते सविस्तर चर्चा करतले. मोदी भारतीय समाजाक मेळटले आनी संसदेच्या संयुक्त अधिवेशनांत उलोवपय करतले.ह्या भोंवडेच्या निमाण्या पावडयार ते ओमानाची राजधानी मस्कटाक पावतले. हे भेटींतल्यान भारत आनी ओमान हांचे मदल्या राजनैतिक संबंदाक 70 वर्सां पुराय जातली. मस्कटांत मोदी ओमानाच्या सुलताना कडेन उलोवणी करतले आनी ओमानांतल्या भारतीय समाजाच्या मेळाव्यात उलयतले.

RS

आयज राज्यसभेंत वेंचणूक सुदारणे विशीं चर्चा परतून सुरू जाली. स्वच्छ आणि अचूक मतदार वेंचणुक वळेरी लोकशाय घटमूट करता आनी पारदर्शकता मतदारांक सशक्त करता अशें AIDMKचे डॉ. एम. थंबीदुराई हाणी म्हणले. वेंचणुक प्रचार ही एक म्हत्वाची प्रक्रिया आशिल्ल्यान राजकी पक्षांक प्रचार करपाची योग्य संद दिवची अशें तांणी सांगलें. निवडणूक आयोग हो निरोगी लोकशाय व्यवस्थेचो एक अत्यंत महत्त्वाचो भाग अशेंय तांणी सांगलें. वेंचणुकेंत सुदारणा ही एक सतत प्रक्रिया अशें

YSRCPचे वाय.व्ही.सुब्बा रेड्डी हांणी सांगलें. वेचनुकीच्या कामकाजात निष्पक्षता, निकालांत  स्पष्टता आणि सार्वजनिक प्रकटीकरणात पारदर्शकता आस्ची हांचेर तांणी भर दिलो

सी-डीओटी

केंद्रीय दूरसंचार मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी आयज सेंटर फॉर डेव्हलपमेंट ऑफ टेलिमॅटिक्स (सी-डीओटी) हांकां इन्स्टिट्यूट ऑफ इलेक्ट्रिकल अँड इलॅक्ट्रॉनिक्स इंजिनियर्स स्टँडर्ड्स असोसिएशन 2025 वर्साचो कॉर्पोरेट पुरस्कार मेळपा खातीर परबीं दिली.सोशल मिडिया पोस्टांत सिंधिया हाणी  सांगलें की सी-डॉट भारतांतली पयली संस्था जाल्या आनी 140 वर्सां पोरन्या आयईईई कडल्यान हो पुरस्कार मेळोवपी संवसारीक पांवड्यार फकत पांचवी संस्था थारल्या. वायरलेस ब्रॉडबँड, ग्रामीण 5जी, दूरसंचार शिक्षणांत आयईईई मानकांक फुडें व्हरप आनी भारतांतल्यान संवसारीक मान्यताय मेळिल्लीं, मानकां आदारीत अभिनव डिझायन तयार करपाक सी-डॉटाच्या योगदानाक हो पुरस्कार  अशें तांणी मत उक्तायलें.

किरेन

काल नवी दिल्लींत जाल्ले काँग्रेसीचे रॅलींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या विरोधात दिल्या आक्षेपार्ह घोशणांचो संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हाणी  निशेध केला. काँग्रेसीचो अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे आनी विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधीन लोकसभा आनी राज्यसभा ह्या दोनूय वेळार देशाची माफी मागची अशें तांणी सांगलें. BYTE किरेन

विरोधकांक दुस्मान न्हय तर राजकी प्रतिस्पर्धी मानचो असो सल्लो प्रधानमंत्री मोदीनी सदांच पक्ष फुडाऱ्यांक दिला अशें तांणी सांगलें.

हे विशी निशेध उक्ताय्ताना  राज्य सभेचे फुडारी जे पी नडडा हाणी म्हणले byte NADDA

नायडू

विमान भाड्याचेर बारीक नदर दवरपा खातीर डीजीसीए खाला काम करपी 'टॅरिफ मॉनिटरिंग युनिट आनीक घटमूट करतले अशें आयज राज्यसभेंत प्रश्नोत्तराच्या वराक पूरक प्रस्नांक जाप दितना केंद्रीय नागरी विमान येरादारी मंत्री राममोहन नायडू हांणी सांगलें byte

विकासीत भारत - जी राम जी कायदो, 2025 हो वीस वर्सां आदल्या मनरेगांतलो एक व्हड बदल आसा. ह्या कायद्यांत विकसीत भारत 2047 कडेन जुळपी आधुनीक वैधानीक चौकट स्थापन केल्या, जी ग्रामीण कुटुंबातल्या ज्या प्रौढ सदस्यांनी अकुशल शारीरिक काम करपा ची तयारी दर्शयल्या तांका१२५ दिवसांच्या मजुरीच्या रोजगाराची हमी दिता

स्पोर्ट्स

पयलेच खेपे स्क्वाश विश्वचषक जिखपा खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज भारतीय स्क्वाश पंगडाक परबीं दिली.

वेदर

भारतीय हवामान खात्यान आयज तेलंगणा, उत्तर अंतर्गत कर्नाटक आनी आंतरीक कर्नाटकांत थंड ल्हारांचो अदमास काडला. दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश, उदेंत मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश आनी ईशान्य भारतांत धुक्याची स्थिती कायम उरतली.